**<u>समाज सेवक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्या</u>**

ता. 25 ऑक्टोबर 2021

समाज कल्याण संचालनालयान उत्कृश्ट समाज सेवक पुरस्कारा खातीर गोंयांतल्या समाज सेवकांकडल्यान अर्ज मागल्यात. लिंगभेद विरयत राज्यातल्या प्रत्येक तालुक्यातल्यान एक मेळून 12 समाज सेवकांक समाज सेवा पुरस्कार भेटोवपात येतले. रोख 25,000/- रूपया, प्रमाणपत्र, शाल आनी श्रीफळ अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालयांत फुकट उपलब्ध आसा. पुराय भरिल्ले अर्ज प्रमाणीत दाखल्ल्यांच्यो प्रती, केल्ल्या समाज कार्याची म्हायती सॉफ्ट कॉपी सीडी आनी हार्ड कॉपी सयत ता. 2 नोव्हेंबर 2021 मेरेन समाज कल्याण संचालनालयांत पावपाक जाय. हे पुरस्कार 19 डिसेंबर 2021 दिसा गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं भेटयतले.

चड म्हायती खातीर संचालक/पालवी संचालक समाज कल्याण संचालनालय फोन नंबर 0832-2232257/2231225 चेर कामाच्या वेळेत संपर्क करचो. मुजती उपरांत आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/877

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji